





# कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग,
विद्यानगर- मडगांव, गोंय 403 601

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय स्थापना 1962
रजि. नं. 341/63


सेवेक,                                                                                    तारीखः 20/07/2024

मुख्याध्यापक / मुख्याध्यापिका,

**विशय: 23वी शणै गोंयबाब कथामाळ सर्त 24 ऑगस्टाक (फोंड्यां केंद्र).**

भोवमानेस्त,

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय, गेलीं साबार वर्सां शणै गोंयबाब कथामाळ ही कोंकणी कथाकथन सर्त घडोवन हाडटा. ही सर्त फाटल्या कांय वर्सां सावन आमी शालेय पांवड्यार सुरू केल्या. ही सर्त पयली ते चवथी, पांचवी ते सातवी आनी आठवी ते धावी ह्या तीन गटांनी जातली.

खूब शाळांतल्या भुरग्यांक कुवत आसुनूय सर्तींत वांटेकार जावंक मेळना आनी शिक्षक आपल्याक लागीं आशिल्ल्या भुरग्यांक सर्ती खातीर तयार करतात असो आरोप आयकुपाक येता. ते खातीर, पयलीं तुमचे शाळेंत वयल्या तीन गटांत ही सर्त घेवची आनी पयल्या दोन जैतीवंत सर्तकांक तुमी केंद्र पांवड्या वयल्या सर्तींत धाडचें अशें आमी नमळायेन मागतात. **शालेय पांवड्या वयले सर्तींत वांटेकार जावपी सर्तकांची वळेरी आनी आंकडो तुमचे निशाणेन सर्तींच्या केंद्रार दिल्यार, आमी त्या सर्तकांचीं प्रमाणपत्रां तुमकां केंद्रारच दितले.**

शालेय पांवड्या उपरांत ही कथामाळ केंद्र पांवड्यार जातली. केंद्र पांवड्या वयले जैतीवंत सर्तक, जिल्लो पांवड्यार जावपी सर्तींत वांटो घेतले आनी थंय जैतीवंत जावपी राज्य पांवड्यार जावपी सर्तींत वांटो घेतले. **जिल्लो आनी निमणी सर्त** मडगांव, कोंकणी भाशा मंडळाच्या कोंकणी भवनांत **1 सप्टेंबराक** जातली.

**अंदूं मंडळान काणी लेखना खातीर इनामां दवरल्यांत.** खासा सर्ती खातीर नवी काणी पालक, शिक्षक वा हेर कोणेंय बरयिल्ली आसत जाल्यार त्या त्या केंद्रा वयल्या कथामाळ संयोजकाक काणये सयत संपर्क करचो. **काणी लेखन सर्तींत वांटेकार जावपाचो अर्ज पत्रा** सांगाताक जोडला.

**केंद्र पांवड्या वयली ही सर्त पी.ई.एस. शिक्षणशास्त्र म्हाविद्यालय, फार्मागुडी हांगा <u>शेनवार, 24 ऑगस्ट 2024 ह्या दिसा दनपरां 2.00</u>** वरांचेर घडोवन हाडटले. ह्या पत्रा वांगडा **सर्तीचे नेम आनी वांटेकार जावपा खातीरचे अर्ज** जोडल्यात. तुमी **हे अर्ज भरून सर्ती दिसा केंद्रार दिवचे** अशें मागतां. अदीक माहिती खातीर संपर्क – 8308360986 (सान्वी खांडेपारकार), 7972755251 (चेतन खेडेकार).

बरें मागून,

शलाका देसाय,
संयोजक,
शणै गोंयबाब कथामाळ 2024

**चत्रायः सर्तकांनी दिल्ल्या वेळाच्या फकत 10 ते 15 मिणटां आदीं सर्तीच्या थळाचेर पावचें. बेगीन पावल्यार जंय सर्त आयोजीत जाता ते शाळेक आनी आयोजकांक त्रास जाता देखून तुमच्या सहकार्याची आस्त बाळगितात.**


Konkani Bhavan, Shankar Bhandari Marg, Vidyanagar- Margao, Goa 403601
• www.konkanibhashamandal.com • konkanibhashamandal.goa@gmail.com
www.facebook.com/konkanibhashamandal.goa • www.instagram.com/konkani_bhasha_mandal
• www.youtube.com/konkanibhashamandal • Ph.: 0832-2750585 Mobille: 7262837442